राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक विशू सणाची परबीं

ता. 14 एप्रिल 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी 15 एप्रिल 2022 दिसा मनोवपात येवपी विशू सणानिमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळच्या भावांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, विशू सण मलयाळम म्हयनो मेदामचो पयलो दीस. विशू सण पारंपरीक नव्या वर्साचो आनी लुवणीच्या हंगामाचो उमेदीचो दीस. कुटुंबांतले सगळें सदस्य एकटाय येवन, सांस्कृतीक कार्यक्रम आनी देवळांनी प्रार्थना करून हो सण मनयतात. हो सण उत्साह आनी धार्मिक भावनेन मनयतात. ह्या सणातल्यान एकवट आनी सलोख्याची भावना वाडिक लागतना विविधतायेत एकजूटी खातीरची आमची वचनबद्दताय आनीक घट जाता.

ह्या वर्सा सण आनी उत्सव आमी सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया. विशू सण प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/258

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji